प्रादेशिक खबरो 20.०८.२०२५ @ ७.25 am

गणेश 70

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे जीएसटी बसके खातीर रातीं दिल्लीक गेले. जीएसटी बसकेक हाजेरी लावपा सयत मुखेलमंत्री प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेवपाचे आसात. 20 आनी 21 ऑगस्ट अशे दोन दीस जीएसटी मंडळाची बसका जातली. जीएसटी बसके खातीर हांव दिल्लीक वतां. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे भेटीची वेळ थारल्या अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिल्ली वच्चे पयलीं सांगलें. मंत्रीमंडळ फेरबदला विशीं उलोवपाक मात मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी न्हयकार दिलो.

रश्मी 70

माडांक रोग लागिल्लयान नाल्लाच्य पिकावलीचेर परीणाम जाला, हाका लागुंन राज्यात अंदु नाल्लाचो आकडो उणो जाला अशे शेतकी मंत्री रवी नायक हांणी म्हणला. चवथीच्या परबेच्या काळात नाल्लाचो उणाव जावचो न्ही म्हण कर्नाटकातल्यान नाल्ल आयात केल्यात.हे नाल्ल फलोत्पादन म्हामंडळाच्यान सगळ्या गाड्याचेंर सराकरान नाल्ल भरपूर प्रमाणात उपलब्ध केला

म्हामंडळान नाल्ल विकपाक दवरल्यात म्हण नाल्लाचो काळो बाजार जावचो ना म्हण गोंयकारांनी खोस उक्तायल्या. तशेच गोंयचे नाल्लाची पिकावळ परत जाग्यार हाडपाक नाल्ल पिकावलीचेंर सराकरान गर्भीयान विचार करचो अशी प्रतिक्रिया गोंयकांरांनी व्यक्त केल्या.

रश्मी 120

गोंय छायाचित्रकार पत्रकार संघटनेची 18 व्या वर्धापन दिसाची कार्याल जाली. गोंयात आशिल्ली देवळा, चर्ची, हेर धर्मिक थंळां, वन्य जीण, सैम. गोंयची सोबीतयाक फोटोच्या माध्यमातल्यान लोका मेरेन पावयात. फोटोग्राफी हे आयच्या काळातले प्रभावी माध्यम आसा, ताचो उपेग गोंयच्या सोबीतीकायचे दर्शन

घडोवपाखातीर फोटोग्राफी करची अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हेवेलार केले. फोटो जर्नलिस्ट संघटनेक नवे कार्यलय  दिवपाच्य नदरेतल्यान काम सुरु आसा अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

Byte- cm

गोंयची दांयज थळां फोटोग्राफ्रीच्या माध्यमातल्यान संसारा मुकार येवप  महत्वाचे आसा. काळाप्रमाण  कॅमेराचे तंत्र बदलला ताका लागुन नव्या अत्याधुनिक  कॅमेराचो उपेग फोटोग्राफरांनी करचो. हे कॅमेरा घेवपाक सरकारान अशा फोटोग्राफरांक मजत करची अशे विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी म्हणला.

Byte- yuri alemao

एक फोटो कितल्याश्याच महत्वाच्या क्षणाचो साक्षीदार आसता, पत्रकारीतेतली फोटोग्राफी जाल्यार समाजाक दिशादर्शक आसता अशें आमदार गविंद गावडे हांणी म्हणला.

रश्मी 60

तात्पुरती स्थगीत केल्ली एअर इंडियाची गोवा-लंडन (गॅटविक) ही थेट विमान सेवा शिंयाळ्या वेळापत्रक 2025 त परतून सुरू जातली अशी म्हायती राज्यसभेत खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी केल्या अतारांकीत प्रस्नाक जाप दितना नागरी विमान मंत्री मुरलीधर मोहोल हांणी दिल्या.

गुजरात अहमदाबाद हांगा १२ जुनाक विमान अपघात जाल्या उपरांत एअर इंडिया विमान सेवेन गोवा-लंडन (गॅटविक) ही थेट विमान सेवा कांय काळां खातीर स्थगित केल्ली.

NSD 100

आयटी 2.0 - प्रगत टपाल तंत्रज्ञान (एपीटी) देशभरांत चालीक लायिल्ल्यान डिजिटल परिवर्तनाच्या एका नवीन युगात प्रवेश केला अशें इंडिया पोस्टान जाहीर केलां. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दृश्टीकोना खाला आनी केंद्रीय संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य एम. सिंधिया यांच्या मार्गदर्शनाखाला सुरू केलो हो उपक्रम डिजिटल इंडियाच्या दिशेन वाटचालीतलो एक मैलाचो फातर म्हण येवकारतात . सेंटर फॉर एक्सलन्स इन पोस्टल टेक्नॉलॉजीन स्वदेशी पद्धतीन विकसित केलली ही प्रणाली सरकारच्या मेघराज २.० क्लाउडर चलता आणि बीएसएनएलच्या देशव्यापी कनेक्टिव्हिटी वरवि समर्थित आसा . नव्या प्रणालींत फुडले पिळगेचीं जायतीं खाशेलपणां आसात, तातूंत एकत्रीत संवाद, क्यूआर-कोड आदारीत फारीकणी, ओटीपी आदारीत वितरण आनी अचूकता सुदारपा खातीर 10-अंकी अल्फान्यूमेरिक डिजीपिनहांचो आस्पाव जाता.

स्पोर्ट्स 30

YMCA वतीन घेतील्या प्रमुख मानाकन टेबल टेनिस सरती कंपाल इनडोर स्टेडियमात सुरु आसा

कुकली युनीयनाच्या मेन्शन हावस क्लब पयल्या अखिल गोंय अंतर्ग्राम फुटबॉल सर्तीत सा जुझे दी आरीयल स्पोर्ट्स क्लबान दणदणीत विजयी सलामी दिली

हवामान 50

राज्यात पावस नेटान पडप चालू आसा. चडशा सुवातानी मध्यम ते ऊटगाराचो पावस पडला . 20 आनी 21 तारखेक दक्षिण कोंकण-गोंय दर्यादेग आनी लागसारच्या दर्या वाठारांनी वादळी हवामानाची शक्यताय आसा आनी वाऱ्याचो वेग 45-55 किमी.आसतलो 22, 23 ऑगस्ट क दक्षिण कोंकण आनी गोंय दर्यादेगेर वादळी हवामानाची शक्यताय आसा असो अदमास वेधशाळेन दिला